# <u>गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण संघटनेचो वर्सुकीं स्थापणूक दीस मनयलो</u>

ता. 6 डिसेंबर 2021

गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण संघटनेचो 59 वो वर्सुकीं स्थापणूक दीस आयज आल्तिन हांगा गोंय राखीव पुलीस दळाच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात मनयलो.

पुलीस म्हासंचालक, गृहरक्षक कमांडर जनरल आनी नागरी संरक्षण संचालक डॉ. इंद्रदेव शुक्ला, पुलीस म्हानिरिक्षक श्री. राजेश कुमार, पुलीस अधिक्षक, गृहरक्षक उपकमांडर जनरल आनी नागरी संरक्षण उपसंचालक श्री. शेखर प्रभूदेसाय, नागरी संरक्षण वैजकी अधिकारी डॉ. प्रकाश लवंदे आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना पुलीस म्हासंचालक डॉ. इंद्रदेव शुक्ला हांणी गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण स्वंयसेवकांच्या सेवेची तोखणाय करून गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण स्वंयसेवक गोंय पुलीसांच्या वांगडा म्हत्वाची सेवा दितात, अशें सांगलें.

संघटनेच्या सेवेचो व्याप वाडोवपा खातीर तांणी स्वंयसेवकांक कार्यालयीन वेवस्थापन आनी नवीन तंत्रज्ञान शिकून घेवपाक सांगलें.

सुरवातीक श्रीमती आजिल्डा डिसौझा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. वैजकी अधिकारी डॉ. प्रकाश लवंदे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1013

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji